**राज्य पांवड्यावयल्या ट्रायबल खेळां सर्तीक सुरवात**

ता. 11 मे 2023

गोंय खेळां प्राधिकरणा वतीन आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या ट्रायबल खेळां सर्तीक आयज फोंडेच्या खेळां प्रकल्पात सुरवात जाली. कबड्डी, खो-खो, व्हॉलिबॉल, टेनिस बॉल क्रिकेट, टग ऑफ व्हॉर, लंगडी, लगोरी ह्या खेळांनी सर्ती जातल्यो. राज्यांतल्या बाराय तालुक्यांतल्यान सुमार दोन हजार खेळगडें दोन दीस चलपी खेळां सर्तींत सहभागी जाल्यात.

खेळां आनी आदिवासी कल्याणमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी कृशीमंत्री श्री. रवी नाईक हांच्या उपस्थितीत खेळां सर्तीचें उक्तावण केले.

ह्या वेळार उलयताना खेळांमंत्री श्री. गोविंद गावडे हांणी सर्तीत सहभागी जाल्ल्या खेळगड्यांचे अभिनंदन करून आपल्या खेळां प्रकारांत उत्कृश्ट खेळांचे प्रदर्शन घडोवपाक सांगलें. गोंयच्या आदिवासी समाजातल्या युवकांमदी खेळां कौशल्य भरपूर आसून तांच्या  कौशल्ल्याक उर्बा दिवप हो ट्रायबल खेळां सर्तीचें आयोजन करपा फाटलो उद्देश आशिल्ल्याचें तांणी सांगलें.

कृशीमंत्री श्री. रवी नाईक हांणी  ट्रायबल खेळां सर्त आयोजीत केल्ले खातीर गोंय खेळां प्राधिकरणाचे आनी सर्तीत सहभागी जाल्ल्या खेळगड्यांचे अभिनंदन केले आनी मागास समाजातल्या युवकांक आपले खेळां कौशल्ल्य सुदारपाक ह्या सर्तीचो फायदो जातलो, अशें सांगलें.

ह्या वेळार राष्ट्रीय खेळां सर्तींनी प्रतिनिधीत्व केल्ल्या खेळगड्यांचो मानेस्तांच्या हस्तुकीं सत्कार केलो.

गोंय खेळां प्राधिकरणाच्यो कार्यकारी संचालक डॉ. गीता नागवेकर, साग चे संचालक रोहित कदम, अर्जुन पुरस्कार जैतवंत श्री. ब्रुनो कुतिन्हो आनी हेर सरकारी अधिकारी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/392

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.